**मडगावां जिल्हा पांवड्याचेर गोंय मुक्ती दीस मनयलो**

ता. 19 डिसेंबर 2022

भौशीक बांदकाममंत्री श्री. नीलेश काब्राल हांणी आयज मडगावच्या माथानी साल्दाना प्रशासकीय संकुलात आयोजीत 62 व्या गोंय मुक्ती दीस सुवाळ्यात राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयलो

सुवाळ्यात उलयतना श्री. काब्राल हांणी स्वातंत्र्य सैनिकांच्या त्यागाचो उगडास करून परकीय राजवटीतल्यान मेळयिल्ले स्वातंत्र्य आमी सांबाळून दवरपाची गरज उक्तायली. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या फुडारपणाखाला राज्यात उदरगतीचे दीस आयिल्ले आसा,पुण हाचो अर्थ असो न्हय की 1961 उपरांत प्रगतीचे दीस नाशिल्ले. गोंयांक स्वातंत्र्य मेळ्ळे तेन्ना सावन ते आतामेरेनच्या प्रत्येक सरकारन राज्याच्या उदरगतीखातीर प्रत्येक मळार योगदान दिल्ले आसा. डॉ.सावंत हांच्या सक्षम नेतृत्वाखाला हे सरकार राज्याक विकासाच्या वेगवेगळ्या दिकेन फुडे घेवन वचत आसा, तरी आसतना आमी सगळ्यांनी एकवटान प्रयत्न करून राज्याक उदरगतीच्या तेंगशेर व्हरपाक प्रयत्न करपाक जाय, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

भारत देश ह्या वेळार G20 शिखर परिशदेचे आयोजन करता आनी देशातल्या प्रत्येक नागरिकाखातीर ही अभिमानाची गजाल जावन आसा. देशाचो नागरिक म्हूण देशाच्या प्रगतीखातीर प्रत्येक मनशाची भूमिका म्हत्वाची आसा. आमी आमची भुमिका जबाबदारीन पार पाडपाक जाय. दुसऱ्याक दोश दिवक उपकारना. जर आमी स्वताजावन ठरयले जाल्यार आमी आमचे प्रस्न सहज सोडोवपाक शकतले. भारत हो खुशालकायेन जगपाखातीर एक म्हान देश आसा. समाजातल्या प्रत्येक मनशान जात, पंथ आनी धर्माचो विचार न करता राज्य आनी देशाच्या प्रगती खातीर काम करपाक जाय, अशेंय मंत्र्यान सांगलें.

मंत्री श्री काब्राल हांका सुवाळ्याच्या थळार जिल्हाधिकारी श्रीमती ज्योती कुमारी आनी पुलीस अधीक्षक श्री गुरुदास गावडे हांणी येवकार दिलो.

ह्या वेळार श्री काब्राल हांणी पुलीस, गृहरक्षक, उजो पालोवपी दळ, गोंय मानव संसाधन विकास म्हामंडळाचे सुरक्षा दळ आनी दामोदर म्हाविद्यालय, मडगांव, जवाहर नवोदय विद्यालय, काणकोण; युनियन हायस्कूल, सांगे, सेंट तेरेझा हायस्कूल, राय; म्युनिसिपल हायस्कूल, वास्को, गार्डियन एंजेल हायस्कूल, कुडचडे, एमआयबीके हायस्कूल, खांडेपारच्या विद्यार्थ्यांच्या संचलनाची पळोवणी करून मानवंदना दिली.

आमदार श्री. आलेक्स सिक्वेरा, श्री आलेक्स रेजिनाल्ड लोरेन्स, श्री उल्हास तुयेकर, अतिरिक्त जिल्हाधिकारी श्री परेश फळदेसाय; हेर वरिश्ठ सरकारी अधिकारी, स्वातंत्र्य सैनिक आनी विद्यार्थ्यी सुवाळ्याक उपस्थित आशिल्ले. श्री अनिल पै हांणी सुवाळ्याचे सूत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/797

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji